**उजो पालोवपी सेवा संचालनालयावतीन शाळांच्या भुरग्यांखातीर पोस्टर सर्त**

ता. 26 मार्च 2022

उजो पालोवपी सेवा संचालनालयान राज्यांतल्या मुळाव्या आनी माध्यमिक शाळांच्या भुरग्यांखातीर ता. 3 एप्रिल 2022 दिसा पोस्टर सर्तीचे आयोजन केला. सर्त पिराय 7 ते 10 वर्सा आनी पिराय 11 ते 14 अशां दोन गटांत आयोजीत करपात येतली. पयल्या गटाखातीर "School Fire Safety" आनी दुसऱ्या गटाखातीर " Fire Safety Planning" असो विशय आसा.

पोस्टर सर्त डॉन बॉस्को हायस्कुल, पणजी, सरकारी मुळावी आनी माध्यमिक शाळा, पुलीस स्टेशनालागी, म्हापशें, सेंट एण्ड्रु हायस्कुल, वास्को, डॉन बॉस्को हायस्कुल, पिळर्ण कळंगुट, ट्रायम्फ हायस्कुल, पुंडलीक नगर, पर्वरी, सरकारी मुळावी माध्यमिक शाळा, सुरबानवाडो पेडणे, ऐ. जे.आल्मेदा हायस्कुल, फोंडे, सरकारी हायस्कुल, पोरण्या पुलीस स्टेशनालागी, दिवचल, सरकारी मुळावी शाळा, वाळपय, सेंट एलोयसीस हायस्कुल, दिवाडी, न्यु इंग्लिश हायस्कुल, कुंडय, सेंट सेबेस्तियान मुळावी शाळा, आल्त आके मडगांव, कुडचडे उजो पालोवपी दळ, कुडचडे, श्री कात्यायणी बाणेश्वर विद्यालय, किंदळे-पणसूले काणकोण, कुंकळ्ळी युनायटेड स्कुल आनी कॉलेज, कुंकळ्ळी आनी अल मदीना हायस्कुल, वेर्णा, एण्टीक म्हार्दोळ हॉटेलालागी जातली.

चड म्हायती खातीर शिक्षक/पालकांनी लागीच्या फायर स्टेशनार संपर्क करचो वा खात्याच्या https://dfes.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

सर्तीत वाटो घेवपी भुरग्यांनी सकाळी 10.00 वरांचेर सर्तीच्या थळार हजर रावचे. प्रत्येक गटातल्यान उत्कृश्ट तीन प्रवेशीका निवडटले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/201

–

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji